Panaji regional news

22 july2025,7.20pm

मुखेलमंत्री

कर्नाटक म्हादयचे उदक वलोवपाक लागला, मात गोंय सरकार हे विंशी कांयच करीना असो आरोप आयज विरोधकांनी केलो. म्हादयच्या ह्या प्रस्नाचे गांर्भीय लक्षात घेवन सभाघर समिती स्थापन केल्या खरी मात ती कर्नाटका ज्या प्रमाण म्हादयचे उदक वळोंवक लागला त्या विशयाकडे गांर्भीयान पळयना असोय आरोप करीत आयज सभाघरात शुन्य वराच्या लक्षवेध सुचनेवेळार बोवाळ घालो. ह्या समितीची निमणी बसका जानेवारी म्हन्यात जाल्ली, ताका लागुन सराकर आजुन मेरेन कशे गंभीर ना, ही समितीच बरखास्त करात , हाव ह्या समितीचो राजिनामो दिता अशे ह्यावेळार आमदार विजय सरदेसाय हांणी म्हणला. उपरातं ह्या विशयावेल्यान सभाघरात वातावरण तापले आनी विरोधकांनी सभापतीच्या पटला लागसार वचुन बोवाळ घालो. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी कर्नाटकाक म्हादयचे उदक कशेचं वळोंवक दिवचे ना अशें म्हणला. जाल्यार कळसा भंडुरा प्रकल्पाखातीर कर्नाटक केंद्रीय पर्यावरण तशेंच रान खात्याची मान्यताय मेळुंक ना. कर्नाटकाच्या ह्ददीत येवपी बांधकामाक आम्ही कायंच करुंक शकना, मात गोंयच्या वटेन म्हादयचे उदक वळोंवक दिवचे ना. हे बाबतीन गोंय सराकर गंभीर आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

सराकरी शिरवीस

गोंयच्या सुटके झुजाऱ्यांच्या भुरग्यांक सराकरी शिरवीस दिवपाचो बॅकलॉग आता उणो जाला. फकत २५ जणांकुच सइरविस दिवपाची उरला. ह्या १९ डिसेंबर म्हणल्यारुच गोंय मुक्ती दिसापयली ह्या २५ जणांक सरकार शिरवीस दितले अशी म्हायती मुखेलमं६ दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ते आमदार जीत आरोलकार हंणी विचारील्लया प्रस्नाक जाप

दितना उलयताले. मुखेलमंत्र्यान दिल्लया म्हायती प्रमाण स्वातंत्र्य सैनिकांच्या ४३८ जणांनी सरकारी शिरीवीसेखातीर अर्ज केल्ले. हांतुल्ले ४० जण सराकरी शिरविसीखएतार अपात्र थारील्ले. जाल्यार ३९८ जणा पात्र उमेदवार आशिल्ले. हांतुल्लया ३७३ जणांक सरकारी शिरविस मेळ्ळया. जाल्यार आता फकत २५ जणांक सराकरी शिरवीस दिवपाची आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी जीत आरोलकार हांच्या प्रस्ना क जाप दितना दिल्या.

## खर कारवाय

सेप्टीक टॅन्कांचो वेवसाय करपी लवेवसायिकांनी सिवेजीचो रितसर प्रक्रियेप्रमाण विलो लावप गरजेचे आसा, जर कोणी शेतानी वा दोगोंर व हेर सुवातीनी गाणयेर उदकव्हरुन सोडटा जाल्यार ताचेंर सराकर खर कारवाय करतले असी शिटकावमी मुखेलमंत्र्यान दिला. तशेंचmusterd yellow रंग आशिल्लो टॅन्कर नोंदणीकृत सिवेज वरपाक परवानगी आशिल्लो टॅन्कर , हेर टॅन्करांनी सिवरेज वरना हाची जाणवीकाय गोंयकारांनी दवरचे अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

## तियात्रिस्त वेल्बे पुरस्कार 70

मडगांव: १६ वर्सां सकयल्ल्या उदेंत्या तियात्र कलाकाराक उर्बा हाडपाखातीर दिवपी जोसेफीन डायस पुरस्कार काल तरणाटी कलाकार वेल्बे एंजल कार्दोज हिका भेटयलो. काल राती उसरां हो पुरस्कार भेटवण सुवाळो मडगावच्या रवीन्द्र भवनात जालो.गोवा तियात्र अकादमीवतीन हो पुरस्कार दितात. पत्रकार प्रमोद आचार्य हांच्या हस्तुकी हो पुरस्कार भेटयलो. गोवा तियात्र अकादमीन घडोवन हाडिल्ल्या तिसऱ्या आंतरशालेय तियात्र सर्तीतल्या जैतवंतांकय ह्यावेळार इनामा भेटयली. नामनेच्यो तियात्रिस्त चित्रा आफोन्सो हाजीर आसल्यो.

समाज कल्याण

समाज कल्याण संचालनालयान ज्येश्ठ नागरिक सन्मान येवजणेखातीर अर्ज मागयल्यात. संचालनालयावतीन ता. 1 ऑक्टोबर 2025 दिसा संवसारीक ज्येश्ठ नागरिक दिसा राज्य पांवड्यावयल्या कार्यक्रमात 70 वर्सां पिराये वयल्या राज्यांतल्या 14 नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांचो सत्कार करपात येतलो. ल्हान तालुक्यातल्यान एक आनी व्हड तालुक्यातल्यान दोग ज्येश्ठ नागरिकांची सत्काराखातीर निवड करपात येतली..विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय, पणजी आनी दक्षीण गोंय जिल्हा कल्याण कचेरी, मडगांव हांगा उपलब्ध आसा.  इत्सुक 70 वर्सां पिरायेवयल्या नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांनी विहित नमुन्यातले अर्ज फाटल्या तीन वर्सांत केल्ल्या सामाजीक कार्याची सविस्तर म्हायती,  ( सॉफ्ट आनी हार्ड कॉपी/सीडी) आनी दोन पासपोर्ट आकाराचे  फोटो, 15 वर्सांचो राबितो दाखलो आनी हेर आवश्यक दाखल्या सयत संचालक, समाज कल्याण संचालनालय, पणजी वा दक्षीण गोंय जिल्हा कल्याण कचेरी, मडगांव  हांगा सुपुर्द करचे. अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 14 ऑगस्ट 2025 आसा.

सुभाश शिरोडकार

गोंयात शेतकी मळाक  उर्बा दितना सगळयात शिपणावळीची सुविदा उपलब्ध करुन शेता रोवपाक  सराकरान गोंयकारांक  उर्बा दिल्या.  सगळयात चड  पिकावळ  उत्तर गोंयातं जाला.  उत्तर गोंयांत  सुमार  १५ लाख चौखण मीटर जागा पिकावळी सकयल हाडल्या. हांतुन सगळयात  चड  सुवात  पेडण्या आसा, जाल्यार  मये हांगा सुमार ७०० चैखण मीटर जागेत  शेता कसपाक  घेतल्यात असी म्हायती उदका स्त्रोत कात्याचे मंत्र सुभाश शिरोडकार हांण दिल्या.

पोस्टमेन

गोंयात गोंयांभायले पोस्टमेन आसात. हे पोस्टमेन तांचे काम सारखे करीनात, तांका पत्तो कळुंक नाशिल्लयान ते पत्रा संबंधित मनशांमेरेन पावयनात अशे आमदार विजय सरदेसाय हांणी शुन्य वराक सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. ह्या पोस्टमॅनांक कोंकणी भाशा कळना , ताका लागुन ते गोंयात काम करतना घुसपताता, कितलेशेच पावट महत्वाची पत्रा ते संबंधित मनशांकडे पावयनात से त सरदेसाय हंणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. सरकारान हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी तांणी ह्यावेळाक केला. जाल्यार नवेलीची सरकारी प्राथमिक शाळा सद्या सामकी बाबात स्थितीन आसा अशे विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी शुन्य वराक सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. साळेचो सल्ब मोडकळीक आयला, तशेचं टॉयलेट सुविदा नाशिल्यान विद्यार्त्यांचे हाल जातात, हो प्रस्न शइक्षण कात्यान जता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी ह्यावेळार युरी आलेमाव हांणी सइक्षण खात्याचे मंत्री तशेच मुखेलमं६ दोतोर प्रमोद सावंत हांचेकडेन केला. जाल्यार बाणावलीचे आमदार वेन्झी विएगश हांणी ह्याच वराक सराकारी येवजणेचे पयशे लाभार्थ्यांक म्हयनुकी पद्धतीन मेळना अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. जर हयानफुडे पयशए दिवपाक कळाव जायत जाल्यार लाभार्थ्यांक हया पयशांचे व्याज दिवचे अशी मागणी वेन्झी विएगश हांणी केला.

' गणित ' सर्त

फर्मागुडी फोंडेंच्या पीईएस महाविद्यालयान राज्यातल्या उच्च माध्यमिक विद्यालयांसाठी अखिल गोवा ' गणित ' सर्त आयोजित केल्या. ही सर्त ११ ऑगस्ट दिसा फर्मागुडी पीएस महाविद्यालयात जातली. गणित या विशयाचेर पोस्टर तयार करात सर्ती खातीर पायथागोरस - द मॅन बिंहायन्ड द थियरम, पायथागोरिअन ट्रिपलेट्स इन रियल लाइफ आनी द पावर ऑफ राईट ट्रँगल्स अशे तीन विषय आसात. एकपात्री अभिनय सर्तीखातीर - पाय (Pi) : थ्रू टायम् , पाय : इरॅशनल एट प्राउड आनी हांव गणिताक भिता , तेन्ना म्हाका पाय मेळ्ळा अशें तीन विषय आसात. ५ ऑगस्ट २०२५ मेरेन गुगल ऑनलाइन फॉर्म वरवी

प्रवेशिका पीएस महाविद्यालयाच्या आयोजन समितीकडे पावोवच्यो अशें या महाविद्यालयाचे प्राचार्य प्रोफेसर विवेक पिसुर्लेकर हांणी कळीत केला.

जुगारी

मडगाव: आयज फांतोडेर काणकाेण पुलिसांनी केल्ल्या एका धाडसी कारवायेत लोलये-पोळे हांगा एका जुगारी अड्ड्यावेर धाड घालून वट्ट ४० जाणांक अटक केली. आयज फांतोडेर सव्वातीन वराचेर ही कारवाय जाली अशी म्हायती काणकोणचे पुलीस निरीक्षक हरिश रावत देसाय हांणी दिली.